21st April 2025 Regional : 7.20pm

CM Meeting

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज गोंयच्या वेगवेगळ्या खात्यांच्या सचीवांकडे तशेच खात्याच्या मुखेलीवांगडा पर्वरे मंत्रालयात बसका घेतली. ह्यावेळार तांणी गोय राज्यावतीन सरकारी येवजण्यो कशा पद्‌धतीन चालीक लायला ताचो नियाळ घेतलो.तशेंच क्रेंद्रीय अर्थसंकल्पाखातीर गोय राज्याखातीरचे वेगवेगळे प्रस्ताव धाडपा वीशी प्रक्रीया पुराय केल्यो. ह्यावेळार चर्चा जाली.गोंय प्रशासनाची भौशीक सुविधा आनी सेवेची कामा बेगोबेग करची असोय आदेश ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान अधीकाऱ्यांक दीला. निती आयोगाच्या बसकेच्या फांटभुयेर तयारी ह्या बसकेवरवी केली अशे मुखेलमंत्र्यान सांगले.

**CM Bhoma**

भोमा म्हामार्गाच्या रूंदीकरणाच्या फांटभुयेर ज्या 4 लोकांची घरा वतात तांका सरकार घरा बांदपाखातीर पर्यायी सुवात आनी घर बांधपाक पैशे दीतलो,तशेंच रूंदीकरणावेळार देउळ मोडचे ना अशे विधान मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.लोकांनी ताची घरा मोडटले असो गैरसमज करून घेवचो न्ही, कोणतरी तांची तशे सांगुन दीशाभुल करता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

भोमा म्हामार्ग रूंदीकरणाची म्हायती दीवपी खासा presentation भौशीक बांधकाम खात्यान आयज भोमाच्या नागरीकांक मंत्रालयात दीली. ह्यावेळार भोमाचे 70 नागरीक हाजीर आशील्ले.

भोमा म्हामार्गाच्या रूंदीकरणापरस ह्या रस्त्याचेर bypass करचो अशी मागणी presentatin पळोवन लेगीत भोमाविसीयांनी ह्यावेळार केला.

**Damu Naik**

देशाच्या आर्थिक, सामाजिक तशेंच शैक्षणिक क्षेत्रान बदल घडोवन हाडटले जाल्यार एक राष्ट्र एक वेचणूक ह्या संकल्पनेक सबंद भारतीयांनी तेको दिवपाची गरज आसा अशें मत भारतीय जनता पक्षाच्या गोंय फाट्याचे मुखेली दामु नायक हाणें उक्तायला.

वास्को मतदार संघातल्या ड्रायव्हर हिल स्पो. क्लबान आयतारा एक राष्ट्र एक वेचणूक ही पंतप्रधान नरेंद्र मोदी हांची संकल्पना आयच्या युवा मतदारां मेरेन पावोवपाखातीर हातान घेतिल्ल्या जनजागृती कार्यावळींत वाटो घेतल्या उलयताना नायक हाणें म्हळा, की आमच्या देशांभितर खंयच्या तरी राज्यांनी आतऱ्या पयरान वेचणूको जाता त्यो पळोवपाक मेळटा. हाका लागून प्रत्येक वेळार कोटयांनी रूपया खर्च जाता. एक राष्ट्र एक वेचणूक ही संकल्पना लागू जाल्या उपरान्त हो दुडू देशाच्या उद्योगिक, आर्थिक, सामाजिक तशेंच शैक्षणिक क्षेत्रान वापरपाक मेळटलो. ह्या संबंदिची जागृती ही तरणाट्यां मदी पयली जावपाक जाय अशें भारतीय जनता पक्षाच्या गोंय फाट्याचें मुखेली दामु नायक हाणे म्हळा. थाळावो आमदार दाजी साळकार हांचेय ह्यावेळार उलोवप जालें.

पोप फ्रान्सिस

बरोच तेंप दुयेंत उरल्या उपरांत, पोप फ्रांसिस संवसाराक अंतरलें. ते ८८ वर्सां पिरायेचे आशिल्ले. कॅथलिक इगर्जेक नवो आकार दिवपी, गरीबांचो आवाज म्हणून, पोप फ्रांसिस हांका वळखतात. पोप फ्रांसिस हे इतिहासांतले सगल्यात पोरने पोप आशिल्ले. मजगती, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी पोप फ्रांसिस हांच्या मरणाचेर दुख्ख उक्तायलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि पोप फ्रांसिस हे संवसारभरांतल्या लाखांनी लोकांक दया, नम्रताय आनी आध्यात्मिक धैराचो दिवो म्हणून, सदांच याद उरतले. तांणी गरीब लोकांची, मेहनतीन सेवा केली आनी त्रास सोंसपी लोकांमदि आशेची भावना तिगयली, अशेंय तांणी सांगलें. पोप फ्रान्सीस हांचे मरणान माका दुख जाता.

मानवता, दया आनी शांतीकाय हांचो संदेश ताणी शीम आनी जाती भायर पावयलो. समेस्त किरीस्ताव भावांच्या दुखात हाव सहभागी आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दुख उक्तायताना म्हणला.

Mahagaie Bhatta -

राज्य सरकारान सरकारी शीरवीस करपी कर्मचाऱ्यांच्या तशेंच सरकारी अनुदिनीत शिक्षण संस्थाच्या कर्मचाऱ्यांक म्हागाय भत्य्यांन 2% वाड केला,हाका लागुन म्हागायय भत्तो 53 % वेल्यान आता 55% जाला.जानेवारी म्हयन्यासावन हो म्हागाय भत्तो सरकारी कर्मचाऱ्यांक मेळटलो.जाल्यार मे म्हयन्यासावन म्हागाय भत्तो दीवपाच सुरू करतले.तशेंच जानेवारी ते एप्रील म्हयन्यामेरेनचो म्हागाय भत्तो एरीयसासकट कर्मचाऱ्यांक दीतले अशे परीपत्रक आयज वित्त खात्यान जारी केला.

**Cashew Fest Deviya -**

25-27 एप्रील ह्या काळात पणजे डी .बी बांदोडकर मैदानाचेर cashew fest season- 3 चे आयोजन केला.ह्या महोत्सवाचे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी 4:30 वराचेर जातले अशी म्हायती गोंय रान म्हामंडळाची अध्यक्ष आनी पर्येची आमदार डाॅ.देविया राणे हांणी दीला.

गोंयची काजुची पिकावळ 450 हॅक्टर इतकी आसा .हातुंन आनी 280 हॅकाटर काजुची पिकावळ वाडोवपाची मोख रान खात्यान दवरला जाल्यार फुडारात आनीक 1500 हॅक्टर जमीन काजु पिकावळी सकयल रान खाते हाडटले. हातुन साश्टी,तीसवाडी तशेच बार्देश म्हालांनी काजीची पिकावळ वाडोवपाची मोख दवरल्या अशी म्हायती तांणी दील्या.तशेच रिन खात्यान गोंयच्या काजुची 80 हजार रोपे तयार केल्यात ,हातुल्ली 60 हजार रोपे रान म्हामंडळ ते रोयतले अशे देवीया राणे हांणी सांगले.

हे शिवाय गोंयचू काजु म्हण हेर राज्यातले तशेच देशातले काजुबियो विकप्याचेर अन्न आनी वखदा प्रशासन संचालनालयावरवी कडक कारवाय सुरू आसा अशी म्हायती तीणे दील्या.

**<u>जैवविविधता संवर्धन पुरस्कार -</u>**

गोंय राज्य जैवविविधताय मंडळान जैवविविधताय, पर्यावरण आनी पर्यावरण संवर्धन मळा वयल्या तोखणायेच्या वावरा खातीर 2024 वर्सा खातीर गोंय राज्य जैवविविधताय संवर्धन पुरस्कारांची घोशणा केली.

ह्या वर्सा हे पुरस्कार पाच श्रेणींत भेटयतले. सर्वोत्तम जैवविविधताय वेवस्थापन समिती (उत्तर आनी दक्षीण गोंय) दरेकी 50,000 रुपया, वैयक्तिक श्रेणींत उत्तर आनी दक्षीण गोंयांतल्यान दरेकी एका व्यक्ती खातीर 25,000 रूपया, जैवविविधताय उत्साही श्रेणींत उत्तर आनी दक्षीण गोंयांतल्यान दरेकी एका व्यक्ती खातीर 15,000 रूपया, वेव्हारीक जैवविविधताय संशोधक श्रेणींत 25,000 रूपया, हरित पत्रकारिता श्रेणींत 25,000 तशेंच विशेश प्रशंसा पुरस्कार श्रेणींत प्रत्येकी 10,000 रुपया रक्कमेचे पुरस्कार दितले.

सर्वोत्तम जैवविविधताय वेवस्थापन समिती श्रेणींत पिळगांव जैवविविधताय वेवस्थापन समिती आनी बांदोड्यां जैवविविधताय वेवस्थापन समितीक जाल्यार विशेश श्रेणींत चांदर, केळशी आनी वेर्णा बीएमसी हांका पुरस्कार जाहीर जाला.

वैयक्तिक श्रेणींत निवृत्त कृशी उपसंचालक विठ्ठल अनंत जोशी (उत्तर गोंय) आनी निवृत्त सरकारी कर्मचारी आनी उत्साही फळ उत्पादक दत्ताराम गोपाळ सरदेसाय (दक्षीण गोंय) हांका पुरस्कार जाहीर जाला. तोखणाय श्रेणींत (वैयक्तिक) आनंद मेळेकार (उत्तर गोंय), लीलावती उसगांवकार, नावो पावणो आनी फा. सिरियाक जेम्स (दक्षीण गोंय) हांका पुरस्कार जाहीर जाला.

जैवविविधताय उत्साही श्रेणींत गोमंतक गौसेवक महासंघाचे अध्यक्ष कमलाकांत सावळो तारी आनी गोंय वैजकी म्हाविद्‌यालयांत सध्या कार्यरत आशिल्लें देवेश नायक हांकां पुरस्कार जाहीर जाला.

उत्साही श्रेणींत तोखणाय पुरस्कार जहीर करमली आनी  दुमिंग आर्केडिओ फर्नांडिस (उत्तर गोंय) आनी राजेंद्र वेळीप, रॉय बार्रेटो, नेस्टर फर्नांडिस आनी  पियो प्रॅक्सेडीस ज्युलिओ काद्रोस (दक्षीण गोंय) हांका जाहीर जाला. तोखणाय जैवविविधताय संशोधक श्रेणींत गोपीनाथ विष्णू गावस, मांगिरिश धारवाडकार आनी  राहुल कुलकर्णी हांका पुरस्कार जाहीर जाला. हरित पत्रकारिता श्रेणींत फोटो पत्रकार गणेश शंकर शेटकार हांकां आनी तोखणाय श्रेणींत वहाब खान, आरती दास आनी सुभाष महाले हांका पुरस्कार जाहीर जाला.

बीएमसीचे कार्य सुलभ करपा खातीर तोखणायेचो वावर करपी सचीव वा अध्यक्ष वा सक्रिय वांगडी म्हूण प्रमाणपत्र, स्मृतिचिन्ह आनी रोख 5,000 रूपयांचो पुरस्कार नितीन सावंत (सचीव, नेवरा बीएमसी), अंकिता देसाय (सचीव, कुडतरी बीएमसी), प्रिया आल्मेदा (अध्यक्ष, नावेली बीएमसी), विनय तुबकी (अध्यक्ष, श्रीस्थळ बीएमसी), नंदा माजिक (अध्यक्ष, केरी- सत्तरी बीएमसी), युसेबियो ब्रागांझा (सचीव, राय बीएमसी), महेश वायंगणकार (अध्यक्ष, हरमल बीएमसी), अल्विटो डिसिल्वा (अध्यक्ष, पोम्बुर्पा बीएमसी), नरेश शिगांवकार (सदस्य, कुळे बीएमसी), योगीराज गोसावी (फोंडें नगरपालिका), क्षितीजा नायक (सचीव, मळकर्णे बीएमसी), देविदास वेळीप (अध्यक्ष, बार्शे केपें बीएमसी) हांकां जाहीर जाला.

**उजो आनी आपतकालीन रक्तदान शिबीर**

उजो आनी आपतकालीन सेवा संचालनालयान उजो प्रतिबंद सप्तक कार्यक्रमाचो एक भाग म्हूण हालीच गोंय वैजकी म्हाविद्‌यालयाच्या जोड पालवान रक्तदान

शिबीर आयोजीत केल्ले. ह्या रक्तदान शिबीरात अधिकारी आनी कर्मचारी मेळून 60 जाणांनी रक्तदान केले.

संचालनालयाच्या प्रशिक्षण केंद्रात आयोजीत केल्ल्या रक्तदान शिबीराचे उक्तावण संचालक नितीन रायकर हांच्या हस्तुकीं जाले. उपसंचालक राजेंद्र हळदणकर, अधिकारी श्रीपाद गावस, फ्रासिस्को मेंडीस, बॉस्को फेर्राव, जीएमसी च्या रक्तपेडीचे वैजकीय अधिकारी डॉ. संजय कोरगांवकर ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.